**आयुष मंत्र्यान खोर्ली पंचायतीक हर्सव्हॅन भेटयली**

ता. 16 मे 2020

आयुषमंत्री श्री. श्रीपाद नाईक हांणी आयज खोर्ली पंचायतीक हर्सव्हॅन भेटयली. आयुषमंत्र्यान हर्सव्हॅनीच्यो चाव्यों सरपंच श्री. शिवा नाईक हांचे कडेन सुपूर्द केल्यो.

खासदार थळावो वाठार उदरगत येवजणेखाला दिल्ल्या ह्या हर्सव्हॅनीची किंमत 5.25 लाख रूपया आसा. खोर्ली गांवच्या लोकांनी खासदाराकडेन हर्सव्हॅनीची मागणी केल्ली आनी आयज ती पुर्ण जाल्या.

उपसरपंच कायतान पो, पंच वांगडी चंद्रकांत काणकोणकर, श्रीमती सुमन धुळापकर, श्रीमती समृध्दी कुंडईकर, मुश्ताक शेख, लुसियान पेरेरा, अच्युत धुळापकर, सुरज नाईक आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/256

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA